# मनशाच्या निरोगी जीणेखातीर वखदीं झाडां म्हत्वाची-राज्यपाल

ता. 9 जुलय 2020

मनशाच्या निरोगी जीणेखातीर वखदीं वनस्पतीं आनी झाडां म्हत्वाची आसून भरपूर प्रमाणात कॅलशियमाचो आसपाव आशिल्ले मोरिंगा ओलेफेरा म्हळ्यार मशींग हे एक वखदी झाड आसा आनी ह्या झाडाच्या पानांचो आनी सांगाचो आमच्या जेवणांत आसपाव केल्ल्यान रक्तदाब नियंत्रणात दवरपाक, प्रतिकारशक्त वाडपाक, कॉलेस्ट्रॉल नियंत्रणात दवरपाक आनी कांतीचे रोग पयस दवरपाक मदत जाता, अशें राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी आयज राजभवनार वनमहोत्सव कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

राजभवनान रानां खात्याच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात राज्यपालान राजभवनाच्या प्रवेश दारालागीच्या वखदीं झाडांच्या वाटीकेत मंसगाच्या झाडाचो रोपो लावन वनमहोत्सव कार्यक्रमाचे उकतावण केले.

झाडां आमकां प्राणवायू दिवपा वांगडाच भरपूर प्रमाणात जीवनसत्वां दितात आनी त्या खातीर आमी झाडां लावन तांची काळजी घेवपाक जाय, अशेंय राज्यपालान सांगले.

मुख्य सचीव श्री. परिमल राय हांणीय वनस्पतीं वाटीकेत मंसगाचे झाड रोयले.

राज्यपालाचे सचीव श्री. रूपेश कुमार, मुख्य रानपाल श्री. केशव कुमार हेवूय ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

सुरवातीक प्रधान मुख्य रानपाल श्री. सुभाष चंद्रा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

पालवी रानपाल श्री. अमर हेबळेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/374

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA